



वर्स 17 अंक 03

डिसेंबर 2024


उमेदींत लिकलिकत, आयले चोंब्यानी काजुले
आंगानआंग पर्जळ्ळे कोंकणी साहीत्याचे मळे.

# विश्व कोंकणी केंद्र–संस्कृतायेचें राजपाटण



## विश्व कोंकणी केंद्र

विश्व कोंकणी केंद्र हें पयल्या विश्व कोंकणी अधिवेशनांत 1995 वर्साच्या निमाण्या थारावांतल्यान दिल्ल्या आज्ञापत्राचें प्रकटीकरण. भारतांत मंगळुरूंतल्या तीन एकर कोंकणी गांव, शक्तिनगर हांगा स्थापन जाल्लें हें केंद्र कोंकणीचें एक समृध्द केंद्र म्हूण वळखतात. संवसारभर रावपी कोंकणी लोकांनी आपलें 'घर' म्हूण हक्कान मानूं येता अशी ही सुवात. ह्या केंद्राचें नांव श्री पी. दयानंद पै आनी श्री पी. सतीश पै ह्या नामनेच्या व्यक्तींच्या उगडासांत दवरलां. ह्या केंद्रांत संग्रहालय, वाचनालय, संशोधन केंद्र, हॉल ऑफ फेम आनी सेमिनार हॉल, मंडळ कक्ष आनी सभाघर आशिल्ली अत्याधुनीक सुविधा आसा. तशेंच कॅम्पसांत सोयरे आनी विद्वानांक घरांत श्री टी. व्ही. रमण पै आनी श्रीमती विमला व्ही पै हॉस्टेल आसा.

संवसारीक कोंकणी केंद्राचो बुन्यादी फातर 5 सप्टेंबर 2005 दिसा घातलो. पी. दयानंद पै आनी पी. सतीश पै वर्ल्ड कोंकणी केंद्राचें उक्तावण गोंयचे मानादीक मुख्यमंत्री श्री दिगांबर कामत हांणी 17 जानेवारी 2009 दिसा केलें. समेस्त कोंकणी समाजाक ए अभीमान दिसपा सारखी घडणूक अशें आमच्यान म्हणूंक जाता.







**संकलन – शिवानी श्रीहरी वेरेंकार**

**बरोवपी - लुईजा डिसोजा, द्विती कवळेकर**

**मार्गदर्शक– गुणाजी सदानंद देसाय**



**भितरल्या पानार -**

**1. कोंकणी हॉल ऑफ फेम आनी संवसारीक कोंकणी दायज संग्रहालय**

**2. ग्रंथालय आनी भंडसाळ**

**3. विश्व कोंकणी केंद्रांतले आमचे अणभव**

**4. खिणचित्रां**

# कोंकणी हॉल ऑफ फेम आनी संवसारीक कोंकणी दायज संग्रहालय




## कोंकणी हॉल ऑफ फेम

कोंकणी हॉल ऑफ फेम (विश्व कोंकणी कीर्ति मंदिर) हें विश्व कोंकणी केंद्रांत आसा. हांगां कला, लोककथा, साहित्य, शिक्षण, विज्ञान ह्या सारक्या वेगवेगळ्या मळार समाज कल्याणाचे हेतून तोखणायेची सेवा दिवपी तेच तरेन तंत्रगिन्यान, बँकींग, राजकारण आनी प्रशासनांत मोलादिक योगदान दिवपी नामनेच्या कोंकणी मनशांचीं हातान रंगयल्लीं चित्रां आसात. व्हड कोंकणी दादले आनी बायलांचें विश्व कोंकणी केंद्राच्या दाव्या वटेनच्या वयल्या माळ्यार बसयलां. हें मंदीर विठ्ठल केणी आनी रुक्मिणी केणी हांच्या नांवान आकाराक हाडलां. कर्नाटक सरकाराच्या अनुदानान संवसारीक कोंकणी हॉल ऑफ फेमाचें दुरुस्तिकरण केलां. हॉल ऑफ फेम दर दिसा सकाळीं 10 ते सांजे 5 वरां मजगतीं लोकां खातीर उक्तो आसता आनी थंय प्रवेश फुकट आसता. भितर सरतकच काळीज उमेदीन आनी अभिमानान भरुन आयले बगर रावना. आमकांय सगल्यांक जिवितांतलो हो सगल्यांत व्हडलो उमेदीचो खिण कसो दिसलो.








## संवसारीक कोंकणी दायज संग्रहालय

संवसारीक कोंकणी केंद्रांत स्थापन जाल्लें संवसारीक कोंकणी दायज संग्रहालय, कोंकणी जिणेचें, संस्कृतायेचें आनी परंपरेचें पंडबिंब जावन आसा. वेगवेगळ्या समाजांतले कोंकणी भास उलोवपी लोक फाटले 8 ते 9 शेंकडे दर्यादेगेर पातळ्ळ्यात. जिणेच्या प्रवासांत तांणी वेगवेगळ्यो वस्तू, उपकरणां आनी साधनां, शेतकी साधनां, शिकार करपाचीं साधनां, रांदचे कुडींतलीं आयदनां आनी हेर सामान आपल्या दिसपट्ट्या अस्तित्वाचो एक भाग म्हूण वापरिल्लो आसूं येता. ही परंपरा आनी संस्कृताय जिवी दवरपा खातीर ह्या संग्रहालयान वेगवेगळ्या कोंकणी भास उलोवपी समाजांतल्यो अश्यो प्राचीन वस्तू एकठांय करपाचो यत्न केला. जाका लागून त्यो सांबाळपाच्यो शास्त्रीय पद्दती वापरून त्यो वंशपरंपरेन तिगोवन दवरूं येतात.

संवसारीक कोंकणी संग्रहलयांत, कोंकणी भास आनी कोंकणी लोकांच्या स्थलांतराचेर आदारिल्लें एक आगळें कायम प्रदर्शन. वयले फोटो आनी सकयल्लो फोटो ह्या प्रदर्शनाचोच एक भाग.



# ग्रंथालय आनी भंडसाळ

## ग्रंथालय




विश्व कोंकणी ग्रंथालय हे कोंकणी साहित्य राखून दवरपाखातीर आनी तिचो प्रचार करपाखातीर वावूरता. ते बरोबर अभ्यासकांक संशोधनाखातीर गरजेचीं पुस्तकां मेळचीं हो हावेस आसा.

पुर्विल्ल्या पुस्तकांचेर उपलब्ध आशिल्लें पुर्विल्लें साहित्य पुनरुज्जीवन आनी तिगोवन दवरप ही विश्व कोंकणी ग्रंथालयाची मुखेल मोख आसा. कोच्ची सावन कोंकण मेरेन ताडाच्या पानांचेर उपलब्ध आशिल्लीं पोरणीं आनी नवीं छापून आयिल्लीं पुस्तकां आनी साहित्यकृती एकठांय करपाची वाटचाल सुरू आसा.

तशेंच ह्या ग्रंथालयांत कन्नड, रोमी आनी देवनागरी लिपींत संवसारभरांतल्या कोंकणी लेखकांची म्हत्वाच्यो साहित्यकृत आसात. कोंकणी लोकांची, तांची भास, परंपरा, कला, संस्कृताय आनी जिणे पद्दतीची मोलादीक म्हायती दिवपी जायतीं पुस्तकां ग्रथालयांत मेळयल्यांत.

संगणकीय बारकोडींग आशिल्ल्या पुस्तकांचो मागोवपाक आनी वाचप्यांक दिवपाक आनी तांचो आढावो घेवपाक आदार दिवपी ग्रंथालय वेवस्थापन प्रणाली स्थापन करून विश्व कोंकणी ग्रंथालयाचें पुराय स्वयंचलन करपाचे प्रक्रियेंत आसा.

## भंडसाळ




'भंडसाळ' हें विश्व कोंकणी केंद्रांतलें कोंकणी वंशीक दुकान, कोंकणी विभाग ज्या वेपारी भावनां खातीर फामाद आसात ताचें प्रतिकात्मक रितीन प्रतिनिधित्व करता. भंडसाळ म्हणल्यार कोंकणींत पारंपारीक वेपाराची सुवात. मध्ययुगीन केनरा हांगाच्या बंदर शारांनी तशेंच गोंय आनी मालाबार वाठारांनी कोंकणींच्यो ह्यो भंडसाळी म्हत्वाच्यो आशिल्ल्यो.

'भंडसाळ' हांगा कोंकणी घरांत वापरिल्ल्या पोरन्या आयदनांची प्रतिकृती, वंशीक कोंकणी संगीताच्या ताल आनी वाद्यांची प्रतिकृती अशो वस्तू विक्री खातीर मेळटात. विश्व कोंकणी केंद्रान तयार केल्लीं यादस्तीक हेर पोरन्या यादस्तीकां वांगडाच दुकानांत दवरल्यांत जीं यादस्तीक म्हणून दिवंक येतात. आधुनीक आनी पुर्विल्ल्या काळांतली कोंकणी संस्कृताय दाखोवपी हेर वस्तू जशीं टोपली, गालिचे, हस्तकला, कला, पारंपारीक चटयो, रजाई, रांदचे कुडीचीं आयदनां आदी वस्तूय दुकानांत मेळटात.

हेर वाठारांतले जे लोक येतात तांकां आपल्या हेर सोयऱ्यांक आनी इश्टांक भेटवस्तू किवां यादिस्तीक म्हणून दिवपाक विकत घेवपाक मेळटा.

# विश्व कोंकणी केंद्रांतले आमचे अणभव



विश्व कोंकणी केंद्रांतलो म्हजो प्रवास वाचनालयांतल्यान सुरू जालो, थंय म्हाका वेगवेगळ्या विशयांचेर बरयल्लीं पुस्तकां पळोवपाक मेळ्ळीं. थंय आमकां सुनापरांत पेपराचे सुरवाते सावन सगळे अंक सांबाळून बाइंड करून दवरल्यात ते पळोवपाक मेळ्ळे. पोरन्या पुस्तकांचो वास आनी शांत वातावरण हाका लागून मन प्रसन्न जालें. कोंकणी शिलालेख आनी श्रावणबेळगोळाच्या गोमतेश्वराची भव्य मूर्त म्हाका चड आवडली. लायव्ह रेकॉर्डिंग नंद गोपाल शेणय, कन्नूर (1904-1963), लक्ष्मी शेणय (1914-1992) हांच्या उगडासा खातीर बांदून उद्घाटन केलें. हो एक रोमांचक अणभव आशिल्लो. हॉल ऑफ फेमांत कोंकणी लेखक, कलाकार हांचे फोटो पळोवपाक मेळ्ळे.

नंदगोपाल शेणय हांचे वांगडा जाल्ली भासाभास हो आनीक एक खाशेलो भाग आशिल्लो. तांणी आमचे बरोबर सामकें प्रेरणादायी उलोवप केलें.

1. तांणें अशें सांगिल्लें की, लोक आपलो गांव सोडून शारांत वता आनी गांवची जमीन विकतात, आमी तशें करपाक जायना, जर आमी शारांत रावतात जाल्यार वर्सांतल्यान एकदां तरी गावांत वचपाक जाय.

2. आयचें कितेंय काम आसा तें आयजूच करूंक जाय, आनी ताणे म्हात्मा गांधीचो सुविचार म्हणिल्लो "work for today as if it's the last day"

3. जर केन्नाय कसली अडचण आयल्यार चड व्हड अडचण चिंतपाक जाय मागीर ती अडचण ल्हान दिसतली.

तांचेवांगडा चर्चा आनी परस्पर संवादात्मक सत्र समृध्द करपी आनी विचार करपा सारकें आशिल्लें. एकूण विश्व कोंकणी केंद्राक म्हजी भेट एक समृध्द अणभव जावन कोंकणी संस्कृताय आनी दायज हांचे विशीं म्हजी समजूत बेसबरी जाली.

**द्विती कवळेकर**

**दुसरें वर्स कला**



विश्व कोंकणी केंद्र मंगळुरांत शक्तिनगर हांगा स्थापन जाल्लें कोंकणीचें एक समृध्द केंद्र. ह्या केंद्रांत वस्तू संग्रहालय, पुस्तकालय, संशोधन केंद्र, हॉल ऑफ फेम आनी सेमिनार हॉल, आनी सभाघर आसा. आमी विश्व कोंकणी केंद्रांत 21 नोव्हेंबराक गेल्लीं. थंय आमी आठ जाण गेल्लीं. दोन शिक्षक आनी स विद्यार्थी. आमी थंय दनपारच्या 3:00 वरांचेर पावलीं. केंद्राच्या कांय वांगड्यानी आमकां येवकार दिलो. डॉ. बी. देवदास पै आनी तांच्या वांगड्यांनी आमकां येवकार सगळ्यांत पयलीं आमी विश्व कोंकणी केंद्राचें पुस्तकालय पळयलें.

पुस्तकालयांत कन्नड, रोमी आनी देवनागरी लिपींत संवसारभरांतल्या कोंकणी लेखकांची म्हत्वाची साहित्यकृती आनी पुस्तकां आसात. उपरांत आमी विश्व कोंकणी दायज संग्रहालय पळयलें. कोंकणी भास उलोवपी वेगवेगळ्या समाजांतले लोक दर्यादेग पट्टेंत पातळ्ळ्यात. जिणेच्या प्रवासांत तांणी वेगवेगळ्यो वस्तू, उपकरणां आनी साधनां, शेतकी साधनां, शिकार करपाचीं साधनां, रांदपाचीं आयदनां आनी हेर वस्तू आपल्या दिसपट्ट्या अस्तित्वाचो एक भाग म्हूण वापरिल्लीं आसूं येतात. ही परंपरा आनी संस्कृताय जिवी दवरपा खातीर संग्रहालयान देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतल्यान आनी वेगवेगळ्या कोंकणी भास उलोवपी समाजांतल्यान अश्यो प्राचीन वस्तू एकठांय करपाचो यत्न केला. उपरांत आमी विश्व कोंकणी केंद्रांत 'हॉल ऑफ फेम' जातूंत कला, लोककथा, साहित्य, शिक्षण, खेळ, राजकारण आदी ह्या सारक्या वेगवेगळ्या मळार समाजाच्या बरेपणाच्या हेतून तोखणायेची सेवा दिवपी व्हड कोंकणी दादले आनी बायलांचे फाटो आसात. ताच्या उपरांत आमी सेमिनार हॉल पळयलो. उपरांत बोर्ड रुमांत विश्व कोंकणी केंद्राचे अध्यक्ष श्री नंदगोपाल शेणै हांच्या सांगाता कांय वेळ सारून उपरांत आमी सांजेच्या सुमार 5:30 वरांचेर थंयच्यान भायर सरलीं.

**लुईझा डीसौजा**

**तिसरें वर्स कला**

# खिणचित्रां












